Panaji

17th August 2025 7.25 am

राज्यपाल

राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी 79 व्या भारतीय स्वातंत्र्य दिसानिमतान राजभवनार येवकार सुवाळो आयोजीत केल्लो. येवकार सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, राज्यपालांची घरकांन्न सुनिला गजपती राजू, येरादारी मंत्री. मॉविन गुदिन्हो, कैंद्रीय राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक, उदकास्त्रोत मंत्री. सुभाष शिरोडकर, वीज मंत्री रामकृष्ण ढवळीकर, पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमांव, राज्यसभा खासदार सदानंद तानावडे, आमदार जीत आरोलकर, डॉ. चंद्रकांत शेट्ये, कार्लुस फेरेरा, आदले लोकसभा खासदार फ्रांसिस सार्दिन , आदले राज्यसभा खासदार लुईजीन फालेरो, मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, , राज्यपालाचे सचीव अर्जून मोहन, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी अंकीत यादव, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी इग्ना क्लिटस, गोंय विद्यापीठाचे कुलगूरू हरिलाल मेनन, राज्यपालाचे अतिरिक्त सचीव संजीव गांवस देसाय, सरकारी सचीव, अवर सचीव, उद्देगांचे प्रतिनिधी, सरकारी अधिकारी आनी हेर प्रतिश्ठीत नागरीक हाजिर आशिल्ले. राज्यपालान सगळ्या उपस्थित मानेस्तांक भारतीय स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटोवन संवाद साधलो.

चवथ लागी

गोयातलो व्हडलो उत्सव चवथ. चवथीक अशे तशे धा दीस उरल्यात. चवथ लागी पावता तशी गोयकारांची उमेद वाडपाक लागता. चित्रशाळांतल्या गणपतीच्या मूर्तीचेर मूर्तीकारांचो निमणो हात फिरूंक लागला. सगळ्यानी पर्यावरणस्नेही मातयेच्यो मूर्ती पूजेक लावच्यो असो आग्रो सरकार करीत आसा पूण ताका तेको म्हूण पर्यावरण मोगी लेगीत जागृतायेच्यो कार्यावळी करूंक लागल्यात. चवथीची माटोळी , गणपती पूजेक लावपाचे मखर , नेवऱ्यो ,लाडू , आनी हेर साहित्य आदीं घराघरांनी तयार करताले पूण हाली वर्सांनी ह्या सामानाचे बाजार भरुंक लागल्यात. गोंया भायर आशिल्ले गोंयकार चवथी निमतान गांवघरा येतात. कोंकण रेल्वेन अतिरिक्त गाडयांची वेवस्था सदचे भशेन वेवस्थित आंखल्या.

Astronaut –

भारतीय अंतरिक्ष यात्री ग्रुप कॅप्टन शुभंशु शुक्ल आयज सकाळी नवी दिल्लीत पावले. केंद्रीय मंत्री जितेंद्र सिंग, दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता आनी भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटनेचे अध्यक्ष डॉ व्ही नारायणन हांणी  तांकां विमानतळार येवकार दिलो. ताका  येवकार दिवपाक ताची घरकान्न आनी पूतय हाजीर आशिललि. शुक्ला 15 जुलयाक आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्रांतल्यान परतले.आंतरराश्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्राक भेट दिवपी तो पयलो भारतीय.

भारताचे पयले अंतरिक्षयान मिशन गगन्यान खातीर वेंचून काडिल्ल्या अंतरिक्षयात्र्यां मदलो शुभंशु हो एक. फुडल्या वर्साच्या अखेर मेरेन ते सुरू जावपाची शक्यताय आसा.

‘नॉकआउट डिजिटल फटवणूक’-

म्हापशेच्या श्रीदोरा काकुलो कॉलेज ऑफ कॉमर्स आनी मॅनेजमेंट स्टडीज म्हाविद्यालय, तशेच  गोंय पुलिस सायबर  विभाग आनी बजाज फायनेन्स ह्या कंपनीच्या जोडपालवान ‘नॉकआउट डिजिटल फटवणूक’ नांवाची सायबर फटवणूक जागृताय मोहिम  हालीच घडोवन हाडली. ह्या मोहिमेन डिजिटल सेवा वापरप्यांक वेगवेगळ्या प्रकारच्या अर्थीक फटवणूक आनी अर्थीक सुरक्षे   विशीं मार्गदर्शन केलें. भारतीय रिझर्व्ह बॅंकेन फाटल्या वर्सा एनबीएफसी क्षेत्रा खातीर ‘फ्रोड रिस्क मॅनेजमेंट’ विशीं मार्गदर्शक तत्वां तयार केल्यात, तांचे प्रमाण ही मोहीम जागृतायेच्या हेतान घडोवन हाडील्ली.ह्या कार्यावळींत उलयतना गोंयचो सायबर गुन्यांव पुलीस निरिक्षक विद्यानंद पवार हांणी म्हणलें, डिजिटल आनी ऑनलायन फटवणूक करपा फाटल्यान अज्ञान, लोभ आनी भंय हीं तीन मुखेल कारणां, दर दिसा हजारांनी लोकांक फटोवन कोट्यानी रुपया वतात. हो आंकडो वाडत आसा.गुंतवणूक आनी डिजिटल अटक हांचे संबंदीत प्रकरणांचो गोंयात सगळ्यांत चड त्रास जाला अशे म्हणले."आनीक एक मुखेल प्रकारचो फटवणूक म्हणल्यार ऑनलायन गेमींग आनी चीनी ॲपा वरवीं फटवणूक,अशी माहिती तांणी दिली. ह्या प्रकारची फटवणूक टाळपा खातीर पालकांनी आपल्या भुरग्यांचेर नदर दवरची. भुरग्यांक मोबायल फोन दितना खाशेली जतनाय घेवची अशी सुचोवणी तांणी केली. गिरायकांची अर्थीक सुरक्षा आमकां सगळ्यांत चड म्हत्वाची आसा, सायबर

सुरक्षीत रावपा खातीर आमी सतत ऑनलायन आनी ऑफलायन सल्लो दितात अशी सुचोवणी बजाज फायेनन्सांच्या अधिकाऱ्यांन केली.

Weather –

गोंयांत आज आनी फाल्या उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. ताका लागून ह्या दोनदिसां खातीर पावसाचो ऑरेंज अलर्टजारी केला. 19 ते 21 ऑगस्ट ह्या काळांत मध्यम स्वरुपाच्या पावसाची शक्यताय आसा. ह्या तीन दिसां खातीर यलो अलर्ट जारी केला.

Sports –

सायपन आंतरराष्ट्रीय बॅडमिंटन सर्तीत भारताची तान्या हेमंत हाणें बायलांच्या एकोडे गटांत जैत मेळयलां. काल उत्तर मारियाना जुंव्यांचेर जाल्ले फायनलींत तान्यान जपानाच्या कानाए सकाईक हारयले. तान्याचें हें वर्साचें पयलें जाल्यार कारकिर्दीतलें चवथें आंतरराष्ट्रीय खिताब.